Rajashri kamat   regional news

14.08.2025 @ 7.20 pm

राज्यपाल  पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या लोकांक भारतीय स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटयल्या

गोयच्या कोयर व्यवस्थापनात एक मैलाचो फातर थारपी धोकादायक कोयर प्रक्रिया साठवण आणि विल्हेवाट सुविधाचे उत्तावन  मुख्लमंत्री प्रमोद सावंत हानी केले .

पणजे कदंबा बसास्थानकार फाळणीच्या इतिहासाची म्हायती दीवपी खासा प्रदर्शन आयोजीत केला.

एएफसी चॅम्पियन लीग सरतीत प्रथमिक फेरयेत FC गोवान  ओमानच्या बलाढ्य अल सीब पंगडचो 2-1 असो फरकान पराभव केलो

DIP 150

राज्यपाल  पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या लोकांक भारतीय स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटयल्या.   आमच्या मातृभूमीच्या स्वातंत्रतायेच्या ह्या इतिहासीक आनी   शुभ प्रसंगार समस्त गोंयकारांक म्हजी  मनाकाळजासावन  उर्बेभरीत  परबीं  आनी  शुभकामनां भेटोवपाक म्हाका खोस जाता. आयज आमी आमच्या स्वातंत्र्य सैनिकांनी भारतीय राष्ट्रीय चळवळीच्या काळात केल्ल्या त्यागाचो व्हडा आदरान उगडास करतात. परकीय राजवटी पासून आमकां मोलादीक स्वातंत्र्य मेळोवन दिल्ले खातीर आमी तांकां आदराच्या भावनेन नमन करतात. तांचे धाडस आनी वचनबद्दतायेक  लागून आयज भारत ही जगातली व्हड लोकशाय जाल्ली आसा अशे राज्यपालानी  आपल्या संदेशात म्हणला.

गोंय हे ल्हान राज्य आसले तरी गोंय राज्याक सांस्कृतीक, इतिहासीक, अर्थीक आनी सैमीक दायजाचे म्हत्व आसा. आमी केल्ल्या आमच्या प्रगतीचेर खुशालकाय मनयतनाच आमी फाटल्या नांवलौकीकाचेर समाधानी रावनासतना आमची अर्थीक भरभराट फुडें व्हरपाक

कटीबद्द जावपाक जाय.आत्मनिर्भर आनी आस्पावीत भारत निर्माण करपाचो सोपूत घेवया, अशें राज्यपालानी संदेशात म्हणला

महेश 160

गोयच्या कोयर व्यवस्थापनात एक मैलाचो फातर थारपी PEL आणि GIEMA यांच्या सहकार्यान GWMC द्वारे पिसुरले इंडस्ट्रियल इस्टेट, सत्तरी हांगा धोकादायक कोयर प्रक्रिया साठवण आणि विल्हेवाट सुविधा (CHWTSDF) चे उक्तावन आमदार डॉ. देविया राणे, आदले खासदार अजय संचेती आणि हेर मानेस्ताच्या उपस्थितीत मुख्लमंत्री प्रमोद सावंत हानी केले .byte cm कॉमन

भौशिक-खाजगी भागीदारी मॉडेला वरवी १२५ कोटींच्या गुंतवणुकीसयत, ही अत्याधुनिक सुविधा मुखावेली १०० वर्सा गोयाक सेवा दितली , धोकादायक कोयराचे वैज्ञानिक आणि शाश्वत उपचार सुनिश्चित करतले अशे हेवेळार उल्यताना मुखेल मंत्र्यान सांगले.गोयातले सगळे उद्योग आता GWMC च्या कडक देखरेखीखाला फक्त PEL वरविच धोकादायक कोयराची वोळेवात लाय्तले अशे ते उल्यले byte cm hazard

पद्मश्री डॉ. शरद काळे सारख्या प्रख्यात तज्ञांच्या मार्गदर्शनाखाला हो प्लांट स्थानिक समुदायांचेर शून्य नकारात्मक परिणाम सुनिश्चित करपाक डिझाइन केला जें वरवि थळाव्याक रोजगाराच्या संधी निर्माण जात्ल्यो अशे तानी म्हणले

कोयर व्यवस्थापनाच्या क्षेत्रात गोय अभिमानान भारत सरकारचो ज्ञान भागीदार म्हणून मुखार येता अशे तानी म्हणले byte cm knowledge.

रश्मी 140

देशाच्या फाळणीच्या इतीहासाचेर आधारीत विभाजन विभीषीका दीसाच्या फांटभुयेर आयज पणजे कदंबा बसास्थानकार फाळणीच्या इतिहासाची म्हायती दीवपी खासा प्रदर्शन आयोजीत केला.ह्या प्रदर्शनाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी

जाले.ह्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे पणजी शार म्हापालीकेचे नगराध्यक्ष रोहीत मोन्सेरात तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या सरकारान CAA कायद्यावरवी अशा नागरीकांचो प्रश्न भारतीय नागरीकत्व दींवन सुटावो केलो. अजुनुय देशाच्या ह्या फाळणीक लागुन कीतलेश्याच नागरीकांक त्रास सोसचे पडले.ह्या इतीहासाचो,भारताक स्वंतंत्र्यताय मेळच्या पयली जाल्ल्या ह्या यादीचो विसर पडचो न्ही म्हण हो विभाजन विभीषीका दीस आम्ही पाळतात अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी प्रदर्शनाचे उक्तावण केल्या उपरांत म्हळा.byte cm Part

रश्मी १30

आपल्या इतिहासाची मुळां जाका खबर आसता थंय एक सशक्त घटमुट अशी पिळगी साकारता. भारत देशाच्य स्वतंत्र्याचो इतिहास, हे स्वंत्त्र्य मेळोवपाक सुटके झुजाऱ्यांनी दिले बलिदान, त्यावेळचो संघर्श हांची जाणवीकाय, राश्ट्रप्रेम जागृत दवरपाच्या नदरेतल्यान तिरंगा रॅली ही चेतना दिवपी म्हण एक बरो उपक्रम आसा अशे खेळा सचिव संतोश सचदेवा हांणी म्हणला..

हे शिवाय गोंय कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन लेगीत आयज तिरंगा रँलीचे आयोजन पाटो पणज वाठारात केल्ले.

रश्मी 100

गोंयच्या गावगिऱ्या वाठारांतल्या बायलांक डीजीटल सक्षम करपाच्या हेतान सरकारान mahila digital sashaktikaran येवजण चालीक लायल्या,तशेंच ग्रामीण पर्यटनाक चलना दीवपी homestay bread and bed policy सरकारान चालीक लायल्या.ह्या दोन्हुय येवजण्यांची म्हायती आनी प्रशिक्षण दीवपी कार्यशाळेचे आयज पर्यटन आणि म्हायती तंत्रगीन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले,

DIP 60

गोवा सरकारन १५ ऑगस्ट क स्वातंत्र्य सैनिकांक पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाकडे आयोजित स्वातंत्र्य दिस कार्यक्रमाक उपस्थित राव्पाक आझाद भवन, पर्वरी ते पत्रादेवी आणि परत अशी एका कदंब बसची ववस्था केल्या जीए-०७- टी-२९०० या क्रमाकाची कदंब बस (बस ड्रायव्हर शिवम रावजी सकाळी १०.०० पयली पोर्न्या सचिवालयाकडे पार्क केली आसतली

पत्रादेवीचो कार्यक्रम सकाळी ११.३० जातलो उपरांत स्वातंत्र्य सैनिकांक घेऊन बस परत पणजी येतली .

डेस्क 15
लाडली लक्ष्मी येवजणे अंतर्गत आपल्या सांगे मतदार संघात वितरण करपी कार्यावळीत मंत्री सुभाष फळदेसाय हाणी लाडली लक्ष्मी तशेच गृह आधाराचे वाटप केले

डेस्क 1200
केंद्रीय गृहमंत्री आणि सहकार मंत्री अमित शहा यांची नवी दिल्लीत भेट घेतली.गोवा अनुसूचित जमाती राजकीय आरक्षण विधेयक मंजूर झाल्याबद्दल तांचे कडे कृतज्ञता व्यक्त केली. म्हजे घर योजना आणि राज्याच्या विकासाखतिर आशिल्या हेर खूपशा मुखेल उपक्रमांचो शुभारंभ करपाक सप्टेंबरात गोवा भेटीचे ताका हार्दिक निमंत्रण दिले. अशे खबरा कडे उलयताना मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगले.

स्पोर्ट्स 20

एएफसी चॅम्पियन लीग सरतीत प्रथमिक फेरयेत FC गोवान आकर्षक जैतची नोंद करत ओमानच्या बलाढ्य अल सीब पंगडचो 2-1 असो फरकान पराभव केलो

IMD 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 26.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 23 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात  दिस काय वाठरांनी व्हडा  प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला